# राज्य कार्यकारिणी समिती कोविड-19 संबंदीत कायदो आनी सुवेवस्था तशेंच हेर उपायांचेर नियाळ घेतलो

पणजी: 26 एप्रिल, 2020

वैशाख 6, 1942

राज्य कार्यकारिणी समितीची बसका (एसईसी) गोंयचे मुखेल सचीव आयएएस श्री. परिमल राय हांचे अध्यक्षते खाला शुक्रारा तारीख 24 एप्रिल, 2020 दिसा पणजेंत वन भवनांत जाली. हे बसकेक, विज्ञान आनी तंत्रज्ञानाचे प्रधान सचीव, श्री. पुनीत गोयल, येरादारी सचीव श्री. एस.के. भंडारी आनी महसूल सचीव, एसईसी आनी एसडीएमए वांगडी सचीव, श्री. संजय कुमार हेर वांगड्या मर्दीं उपस्थीत आशिल्ले.

बसकेंत कायदो आनी सुवेवस्था, ट्रकांची येरादारी, मजत आनी निवारो आनी कोविड स्थितीचो नियाळ सारख्या जायत्या मुद्यांचेर एसईसी-न थोडेभितर माहिती दिली.

भलायकी सचीव श्रीमती निला मोहनन, आयएएस हांणी 3 एप्रिल, 2020 उपरांत कोविड-19 ची एकूय नवी केस मेळूंक नाशिल्ल्याचें कळीत केले तशेंच पत्रादेवी आनी केरी शिमेचेर कोविड तपासणे खातीर नमुने एकठांय करपाक तंबू बसयल्या म्हूण सांगले.

तांणी मुखार अशी माहिती दिली की, जळारां पासून जावपी दुयेंसांचेर नियंत्रण कार्यावळीचेर खातें वावुरता आनी खर फोगींग आनी हेर उपायां खातीर आवश्यक निर्देश जारी केल्या. 1000 थर्मल गन्स मेळपाची आसात अशेंय तांणी कळीत केले.

पोस्टमास्टर जनरल, श्री. विनोद कुमार हांणी पोस्टल वाहना पुराय राज्यांत भोंवतांत आनी तांची वाहनां चडशीं महाराष्ट्रांत वता म्हणपाचे सांगपाक मुद्दो काडलो.

एसईसी-न, कायद्या अंतर्गत आवश्यक डिस्पोसिबल मास्कांचो योग्य विलो लावपाचे पद्दतीचेर पर्यावरण प्रधान सचीवाकडेन चर्चा केली.

बंदर (पोर्ट) सचीवान माहिती दिली की, तारवांतल्यान दैंवल्या उपरांत मुंबयन मरेल्ला डिस्कावरीच्या 66 कर्मचारी वांगड्यांचे नमुनें घेतिल्ले आसात आनी तांचो रिपोर्ट बेगींच कळपाचो आसा. योग्य सहकारा खातीर जिल्लोधिकारी तशेंच भलायकी खात्या कडेन हॉटेल्स आनी सुविधांची सुची दिवची अशें एसईसी-न सांगले.

एसएचजी-न मास्कांचे उत्पादन करपाक सुरवात केल्ली आसून आयज मेरेन दोनूय जिल्लोधिकाऱ्यांक सुमार 10,500 कपड्याच्या मास्कांची पुरवण केल्ली आसा अशी डव्लूसीडी सचिवान माहिती दिली.

पीसीई (पीडब्लूडी)-न माहिती दिली की, तुवें परिसरान मर्यादीत प्रमाणांत उदकाचो पुरवठो चालू उरतलो आनी ताचे अतिरीक्त आशिल्ली उदकाची पुरवण गरज टँकरां मार्फत करतले. पीडब्लूडी सुरवात केल्ल्या साबार कामांचेर 4661 कामगारांक कामांक लायिल्ल्याचे तांणी मुखार सांगलें.

एसईसी-न प्रधान सचिवांक, गोंयांत उपलब्ध आशिल्ल्या कर्मचाऱ्यांचो वापर करतना फार्मा कंपन्यानी संवेदनशील जावचे आनी असल्या केशींनी योग्य तरेन शिश्टाचारान जाग्यार घातले उपरांतूच असले तरेचे परवाने जारी करतले म्हणपाचे सांगले.

शिमेवेल्या चॅकपोस्टांचेर डेटा ऍण्ट्री सुरळीत पणांत चलिल्ल्याची माहिती आयटी संचालकान दिली.तांणी 56 कंपन्यांतल्या 439 कामगारांक मान्यताय जारी केल्या.

नोडल अधिकाऱ्यान (विदेशी) माहिती दिली कि आयचे तारखे मेरेन 5933 पर्यटक 30 खास फॅरी फ्लायटीनी गोंयांतल्यान गेल्ले आसात. सोरो उत्पादन कंपन्यानी सुमार 3.37 लाख लिटर हँण्ड सॅनिटायजराचें उत्पादन केला अशें अबकारी कमिशनरान सांगले. अबकारी खात्यान म्हापशांत 2.5 लाख रुपयांचो अनअधिकृत सोऱ्याचो म्हाल जप्त केला.

वीज पुरवण सामान्य तरेन चलिल्याची माहिती मुख्य अभियंत्यान (विद्यूत) दिली. खात्यान 159 कामगारांक घेवन 15 कामांक सुरवात

केल्या. राज्यांत आवश्यक वस्तुंची पुरवण सामान्य तरेन जाता म्हणपाची माहिती नागरी पुरवण सचिवान दिली. खास करून रमझानाच्या परबेक कसलीय मागणी आसल्यार किराणा-ऑन-व्हील पावोवपाची सुचोवणी लेगीत तांणी दिली.

कायदो सचीवान म्हायती दिली की एमएचए-च्या आदेशानुसार सामाजीक अंतर पाळून नोंदणी कार्यालयां 27 एप्रिल सावन उकती जातली जी हेर सुरक्षा निकश राखून कामां करतली.

सगळ्या पंचायतिंनी एमएचए-च्या मार्गदर्शक सुचोवण्यां नुसार स्वयंरोजगार वर्गा खातीर आतां मेरेन 347 परवानग्यो जारी केल्यात आनी सुमार 1119 कामगार पंचायत संबंधीत वेगवेगळ्या कामांत व्यस्त आसात अशें पंचायत सचिवान सांगले.

21 चालू आशिल्लीं कामां परत सुरू जाल्यांत अशी म्हायती सीई (डब्ल्यूआरडी) न दिली. विभागीय कार्यस्थळांचेर काम करपी 668 कामगारां मदलें 450 कामगार ह्या कामांत व्यस्त आसात. पावसाच्या आदीं सगळीं चालू आशिल्लीं कामा सुरक्षीत टप्प्यार पावपाक जाय असो आदेश एसईसी-न बांधकाम अभियंत्यांक दिलो.

केटीसीएलान 158 बशीं सुरू केल्यात पूण आयतारच्यो खंयच्योच बशीं चालू उरच्यो नात अशें वाहतूक संचालकान सांगले.

तारवट्यां संबंदीत सगळ्या निर्णयांक समन्वय आनी टेळणी करपा खातीर एसईसी-न सचीव, पीएस रेड्डी (बंदर खाते) हांची नेमणूक करपाचो निर्णय घेतला.

वित्त सचीव, श्री दौलत हवालदार; पीसीसीएफ, श्री सुभाष चंद्र; पोस्टमास्टर जनरल, श्री विनोद कुमार; पीसीसीएफ, श्री संतोष कुमार; भलायकी सचीव, मिस. निला मोहनन; अबकारी आयुक्त, श्री अमित सतीजा; नुस्तें वेवसाय सचीव, श्री पी.एस. रेड्डी; सीईओ गोंय, श्री

कुणाल; डीआयजी, श्री. राजेश कुमार, डीआयजी, श्री. केशव कुमार सीएफ (सी), पर्यटन सचीव श्री. जे. अशोक कुमार, पंचायत सचीव, श्री. संजय ग्रिहार, कृषी सचीव श्री. कुलदीप सिंग गांगर, कायदो सचीव श्री. सी.आर. गर्ग, नागरी पुरवण सचीव मीस. ईशा खोसला, उत्तर गोंय जिल्लोधिकारी मीस. आर. मेनका, दक्षिण गोंय जिल्लोधिकारी श्री. अजीत रॉय, डीएमए, श्री. तरिक्व थॉमस, माहिती आनी तंत्रज्ञान संचालक, मीस. अंकिता आनंद, प्रधान मुख्य अभियंतो (पीडब्लूडी) श्री. युव्ह.पी. पार्सेकार, मुख्य अभियंतो (विद्यूत), श्री. आर.जी. केणी, पंचायत संचालक श्री. नारायण गाड, सी.ई. (डब्लूआरडी) श्री. श्रिकांत पाटील, संचालक (वाहतूक) श्री. राजन सातार्डेकार, माहिती आनी प्रसिद्धी संचालिका, मीस. मेघना शेटगांवकार आनी एफडीए संचालिका, श्रीमती ज्योती सरदेसाय खास आमंत्रिता मदीं उपस्थीत आशिल्ल्यो.

DI/NB/PN/SGN/DSK/GD/2020/1919

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA